# फोंडा हांगा सेवा पखवाडा अंतर्गत भौशीक  सेवा शिबिर जालें

ता. 27  सप्टेंबर  2025

सेवा पखवाडा उपक्रमाचो एक भाग म्हूण आयज फोंडा हांगा उपजिल्हाधिकारी आनी  उपविभागीय दंडाधिकारी कार्यालयान भौशीक सेवा आनी कागळ निवारण शिबिराचे आयोजन केल्ले.

ह्या शिबिरात मामलेदार कार्यालय, भुंय सर्वेक्षण, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी, समाज कल्याण , पशुसंवर्धन, कामगार आनी रोजगार, शार आनी नगर  नियोजन, विभागीय कृशी कार्यालय, बाल विकास प्रकल्प कार्यालय (सीडीपीओ), फोंडा नगरपालिका, उदकास्त्रोत विभाग (डब्ल्यूआरडी) आनी स्टेट बँक ऑफ इंडिया आनी हेर  सरकारी विभागांचो सहभाग आशिल्लो.

फोंडा नगरपालिकेच्या  सहकार्यान लोकांक आधार कार्ड दुरूस्ती खातीर एक खास सुविधा उपलब्ध केल्ली. ह्या सेवेक लोकांचो भरपूर प्रतिसाद मेळ्ळो. निवास दाखलो, म्युटेशन, मुंडकार सनद, मतदार वळेरींतल्या तपशीलांची दुरुस्ती, नवीन मतदार अर्जांविशीं मार्गदर्शन आनी कागाळ निवारण अशां सेवांचो लोकांनी लाव  घेतलो. लोकांक एकाच जाग्यार अनेक सुविधां आनी सेवांचो लाव मेळिल्ले खातीर लोकांनी समाधान उक्तावन उपक्रमाची तोखणाय केली.

तशेंच म्हालातल्या 20 कलमी कार्यक्रमाच्या लावधारकांमदी विशेश जागृताय मोहीम राबयली. संबंदीत अधिकाऱ्यांनी 20 कलमी कार्यक्रमाच्या वाठारांत भेट दिवन सरकारान जाहीर केल्ल्या येवजणेचो लाव घेवपा खातीर अर्ज वाटले आनी प्रक्रिये संबंदी मार्गदर्शन केले.

बांदोडा पंचायतीत  फोंडेचें मामलेदार कु.मेघना पी.नाईक, तलाठी श्री. ब्रिजेश नाईक हांणी नागरिकांकडेन संवाद साधून येवजणेची सविस्तर माहिती दिली.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/793

--

--------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.